राष्ट्रपती

दर्जेदार शिक्षणांतल्यानच विकसीत भारताचें ध्येय साध्य जाता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. शिक्षक दिसा निमतान नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार 2026 सुवाळयांत त्यो उलयताल्यो. हयावेलार ताणी 27 राज्यां, सात केंद्रशासित प्रदेश आणि केंद्र सरकारच्या स संस्थांल्यान वेंचून काडिल्ल्या 48 शिक्षकांक राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार भेटयले. हतुत दक्षिण गोंयच्या गुजराती समाज खाशेल्या शाळेंतले शिक्षक महादेव हणमंत शिंदे हांचो आसप्व आसा . तशेंच उच्च शिक्षण संस्था आनी पॉलिटेक्निकांतल्या 21 शिक्षक आनी प्राध्यापकांक तानी पुरस्कार भेटयले. समर्पित शिक्षक हे देशाचे राष्ट्रनिर्माते आसात अशे ताणी सांगले. तशेंच बायलांचे हक्क आनी शिक्षणाच्या मळार सावित्रीबाई फुले हांणी केल्ल्या योगदानाची ताणी तोखणाय केली.

उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन फाल्यां सावन आसाम, मेघालय, मणिपूर आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या चार दिसांच्या भोंवडेर आसतले . हेवेळार ते जायत्या शिक्षणीक, सांस्कृतीक आनी भौशीक कार्यावळींक हाजीर रावतले. भोंवडेच्या निमाणे दिसा ते इटानगरांत जावपी अरुणाचल प्रदेश विधानसभेच्या खाशेल्या अधिवेशनांत वांटेकार जातले

प्रधानमंत्री

पाठ्यपुस्तकां भायर वचून विद्यार्थ्यांचें भुरगेपण तिगोवन दवरून तांचे जिणेक आकार दिवपाचे आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिक्षकांक केले . .

नवी दिल्लींत राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार जैतीवंता वांगडा उलोवप करतना तांणी शिक्षकांक विद्यार्थ्यांच्या जिविताचो एक भाग जावचें अशें आवाहन केलें. तशेंच भुरग्यां मदीं वाडत आशिल्लो स्क्रीन टाइम उणो करपा खातीर तांणी सांगलें .

घरमंत्री अमित शहा

केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा दोन दिसांच्या गोंय भेटेर येवपाचे आसात. भाजपच्या नवनिर्मित राज्य कार्यालयाच्या इमारतीचे फाल्या ताचे हस्तुकी उक्तावण जातले. तशेच, ते पक्षाच्या राज्य कोअर कमिटीच्या बसकेची येजमानकि चलयतले. सोमारा 7 सप्टेंबराक तांच्या येजमानकेखाला अस्तंत विभागीय परिशदेची 28वी बसका पणजेंत जातली. गोवा, गुजरात, महाराष्ट्र आनी दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या राज्यांचो आनी केंद्र शासित प्रदेशांचो हे परिशदेंत आस्पाव जाता. केंद्र आनी राज्यां मदीं तशेंच राज्यां मदीं वेगवेगळया प्रस्नांचेर चर्चा करून सहकार वाडोवप आनी प्रलंबीत प्रस्न सोडोवप हो परिशदेचो हेत आसा. उपरांत ते गोय पुलीसांक प्रेसिडेंट्स कलर्स पुरस्कार दिवपाच्या सुवाळयाक हाजीर रावतले. केंद्रीय घरां आनी शारवेव्हार मंत्री मनोहर लाल हांणी आयज जलशक्ति मंत्री सी.आर.पाटिल आनी वडील अधिकाऱ्यां वांगडा स्वच्छता ही सेवा 2026 मोहिमेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. 17 सप्टेंबर ते 2 ऑक्टोबर मजगत ही मोहीम चलतली. नागरिकांनी हतुत वांटो घेवून स्वच्छता ही सेवा ह्या मोहिमेक भौशीकचळवळीचे स्वरूप दिवचे अशें आवाहन ताणी केलें.

खेळ

टी-20 आशिया करंड क्रिकेट सर्तीतल्या अ गटाच्या निमाण्या खेळात आयज भारतीय बायलांचो पंगड पाकिस्ताना आड खेळटलो. हो खेळ दुबय आंतरराष्ट्रीय मैदानार भारतीय वेळाप्रमाण रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातलो

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत घोग्यांनी पावसा खातीरऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. मजगतीं गोयान हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.